Panaji National 13th October 2025 8.40am

बिहार विधानसभा वेंचणुकेच्या दुसऱ्या टप्प्या खातीर अधिसुचोवणी आज जारी जातली.

बिहार वेंचणुके खातीर एनडीएन जागे वांटपाचो फॉर्मूला जाहीर केल्या उपरांत भाजपाची सीईसी नवी दिल्लींत बसका जाली.

भारतांतली सगळ्यांत व्हडली शालेय हॅकथॉन 'विकसित भारत बिल्डॅथॉन २०२५' आयज जातली.

काल मलेशियात सुलतान ऑफ जोहोर कप 2025 सर्तींत भारतीय कनिश्ट दादल्यांच्या हॉकी पंगडान न्यूझीलंडाचेर जैत जोडले.

Nomination – 70

बिहार विधानसभा वेंचणुकेच्या दुसऱ्या टप्प्या खातीर अधिसुचोवणी आज जारी जातली. हाचे संयत 20 जिल्ह्यांतल्या 122 मतदारांसंघांखातीर उमेदवारी अर्ज सादर करपाची प्रक्रिया सुरू जातली. 20 ऑक्टोबर मेरेन नामांकनां दाखल करूं येतात, आनी 21 ऑक्टोबराक छाननी जातली. 23 ऑक्टोबर मेरेन नामांकनां फाटीं घेवंक मेळटात. सकाळीं 11 ते दनपारां 3 मेरेन उमेदवारी अर्ज सादर करूं येतात. नामांकन केंद्रांचेर वेंचणूक आयोगान खर सुरक्षा वेवस्था केल्या. ह्या टप्प्या खातीर मतदान 11 नोव्हेंबराक जातलें.

बिहार विधानसभा वेंचणुके खातीर मतमेजणी 14 नोव्हेंबराक जातली.

BJP CEC – 190

भारतीय जनता पक्षाच्या केंद्रीय वेंचणूक समितीची बसका काल राति नवी दिल्लींतल्या पक्षाच्या मुखेल कार्यालयांत जाली. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी, गृहमंत्री अमित शाह, संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग, भाजपाचे अध्यक्ष जे.पी.नड्डा, आनी पक्षाचे हेर वरिश्ठ फुडारी हे बसकेक हाजीर आशिल्ले. बिहार विधानसभा वेंचणुके खातीर जागे वाटपाचो फॉर्मुला जाहीर जाले उपरांत आपयल्लें हे बसकेचो हेतू येता त्या बिहार वेंचणुके खातीर पक्षाची रणनिती आनी उमेदवारांची वळेरी निमाणी करपाचो आशिल्लो. राष्ट्रीय लोकशाही आघाडी (एनडीए)न बिहार वेंचणुकेखातीर जागे वाटपाची घोषणा केल्या. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत भाजपाचे सरचिटणीस

विनोद तावडे हांणी भारतीय जनता पक्ष 101 जाग्यांचेर वेंचणूक लढयतली अशें सांगलां. जनता दल युनायटेडाकय तितल्योच सुवाती दिल्यांत. लोकजनशक्ती पार्टी-रामविलास गटाक 29, जाल्यार हिंदुस्तानी आवाम मोर्चा आनी राष्ट्रीय लोक मोर्चा हांकां दरेकीं 6 सुवाती दिल्यांत. वेंचणुकेत NDA इंडी गठबंधन आड लदो दितली. या आघाडीत राष्ट्रीय जनता दल, काँग्रेस, भारतीय कम्युनिस्ट पार्टी- माले लिब्रेशन, भारतीय कम्युनिस्ट पार्टी आनी मार्क्सवादी कम्युनिस्ट पार्टी आनी मुकेश सहनी हांच्या फुडारपणाखाल विकासशील इंसान पार्टी (व्हीआयपी) हांचो आस्पाव जाता. INDI आघाडीन अजून जागावाटपाचो फॉर्म्युला अंतिम करूंक ना, असे वृत्त आसा की आरजेडी आणि काँग्रेस जागावाटप अंतिम करपाखातीर उलोवणी करता. बिहार विधानसभेची वेंचणूक 6 नोव्हेंबर आनी 11 नोव्हेंबराक दोन टप्प्यांनी जातली आनी मतमेजणी 14 नोव्हेंबराक जावपाची आसा.

PM Bihar – 50

प्रधानमंत्री आनी भाजपाचे वरिश्ठ फुडारी नरेंद्र मोदी बुधवारा बिहारांत बूथ पावंड्यावेल्या पक्ष कार्यकर्त्यां कडेन संवाद सादतले. सोशल मिडिया पोस्टांत मोदी हाणी पक्षाच्या कार्यकर्त्यांक मेरा बूथ सबसे मजबूट मोहिमेत वांटो घेवपाची आनी तांच्यो सुचोवण्यो शेअर करपाची विनंती केल्या. कांय निवडक कार्यकर्त्याकडेन तांच्या सुचोवण्यांचेर थेट संवाद सादतले अशें प्रधानमंत्र्यांनी सांगलें.

Viksit Bharat – 90

भारतांतली सगळ्यांत व्हडली शालेय हॅकथॉन 'विकसित भारत बिल्डॅथॉन २०२५' आयज सकाळीं 10 ते राती 11 वरां मजगतीं जातली. विकसित भारत बिल्डाथॉन हो देशव्यापी उपक्रम आसून 6 ते 12 व्या वर्गांतल्या विद्यार्थ्यांक तांची सृजनशीलता आनी समस्या सोडोवपाची कुशळटाय दाखोवपा खातीर सशक्त करपा खातीर शाळा आनी शिक्षकांक आपयतात. या कार्यक्रमाचे उद्दिष्ट शालेय पावड्यार नवोपक्रमाची संस्कृती घठमुट करप आसा. विद्यार्थ्यांक आत्मनिर्भर भारत, स्वदेशी, व्हॉकल फॉर लोकल, आनी समृद्ध भारत ह्या चार विशयांचेर कल्पना मांडपाक वा प्रोटोटाइप तयार करपाक प्रोत्साहन दिवन शालेय पांवड्यार नवनिर्माणाची संस्कृताय घटमूट करपाचो हे कार्यावळीचो हेतू आसा.

Canada - 60

कॅनडाच्यो  परराश्ट्र मंत्री अनिता आनंद भारताच्या  दोन दिसांच्या भोंवडेर काल रातीं नवी दिल्ली पावली. ती आयज नवी दिल्लींत परराश्ट्र मंत्री एस.जयशंकर आनी वाणिज्य मंत्री पीयूष गोयल हांचे कडेन उलोवणी करतली.  आनंद हांची ही भेट द्विपक्षीय यंत्रणा घटमूट करून आनी अर्थीक सहकार्य आनी लोकां मदलो संपर्क वाडोवन दोनूय देशां मदल्या संबंदांक चालना दितली अशें परराश्ट्र मंत्रालयाचे प्रवक्ते रणधीर जायसवाल हांणी सांगलें.

Amit Shah – 130
केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह आयज राजस्थानाच्या एका दिसाच्या भोंवदेर जयपूर पावतले. ताच्या भेटी वेळार ते नवे गुन्यांवकारी कायदे - भारतीय न्याय संहिता, भारतीय नागरीक सुरक्षा संहिता, आनी भारतीय साक्ष्या अधिनियमच्या अंमलबजावणीक  एक वर्स पुराय जाल्ल्यान नमतं आयोजीत केल्ल्या राज्य पांवड्यावेल्या प्रदर्शनाचें उक्तावण  करतले. आयच्यान सुरू जावपी स दिसांच्या प्रदर्शनांत ह्या कायद्यांतल्या मुखेल तरतुदींचेर भर दितले.  प्रदर्शनाचें उक्तावण केल्या उपरांत शाह भौशीक बसकेंतय उलोवप करतले.
 रायजिंग राजस्थान ग्लोबल इन्व्हेस्टमेंट समिट 2024 खाला मेळिल्ल्या चार लाख कोटी रुपयां मोलाच्या समजिकाय कबलाती  खाला सुरू करपाच्या प्रकल्पांच्या भूमिपूजन सुवाळ्यांत गृह मंत्री वांटो घेतले. तशेंच  9,300 कोटी रुपया परस चड मोलाच्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण करतले आनी बुन्यादी फातर घालतले.
अमित शाह विद्यार्थ्यांच्या गणवेशा  खातीर  260 कोटी रुपया आनी दुद उत्पादकांक दुदाचे अनुदान खातीर  364 रुपया कोटी  हस्तांतरीत करतले. 150 युनिटांच्या फुकट वीज येवजणे खातीरय ह्या कार्यावळींतल्यान नोंदणी सुरू जातली.
Prasar Bharti – 30
भारताच्या वाडट्या अर्थवेवस्थेक संवसारभर नवो मान मेळपाक लागला अशें प्रसार भारतीचे अध्यक्ष डॉ.नवनीत कुमार सहगल हांणी सांगलें. ते काल गोयांत सार्वजनिक सेवेतल्या आयसीएआय सदस्यांच्या निवासी बसकेंत उलयताले.
Byte

Army UNTCC – 70
भारतीय लष्कर ह्या म्हयन्याच्या 14 तारखे सावन नवी दिल्लींत संयुक्त राष्ट्र शांती अभियान सैन्य योगदानकर्ता देशांच्या (UNTCC) प्रमुखांच्या परिषदेचे

आयोजन करतले. तीन दिसांच्या ह्या परिशदेंत वट्ट 32 संयुक्त राष्ट्र संघटनेचे सैन्य योगदान दिवपी देश एकठांय येतले आनी सात राश्ट्रांतले 15 मुखेल, 17 उपमुखेल आनी हेर उंचेल्या पांवड्यावेले लश्करी अधिकारी हाजीर आसतले. संवसारभरांतल्या संयुक्त राष्ट्र संघटनेच्या शांतता मिशनांत सैन्य योगदान दिवपी देशांचे प्रतिनिधी आज राष्ट्रीय राजधानींत पावपाची अपेक्षा आसा.

फिल्मफेअर - 55

गोंयचे सूपूत आनी प्रतिभावान दिग्दर्शक आदित्य सुहास जांभळे हाका 'आर्टिकल 370' ह्या हिंदी चित्रपटा खातीर प्रतिशठीत फिल्मफेअरचो 'उत्कृष्ट दिग्दर्शक पदार्पणाखातीरचो' पुरस्कार मेळ्ळो. आदित्य जांभळे हे फिल्मफेअर पुरस्कार मेळोवपी पयलेच गोंयकार थारले. अहमदाबादांत 70 व्या फिल्मफेअर पुरस्कार सुवाळ्याचें आयोजन केल्लें. हे कार्यावळी वेळार तांणी हो पुरस्कार अभिनेतो अक्षय कुमार हांचे कडल्यान स्विकारलो. हे विशी उलयताना तांणी सांगले..... BYTE

Mah beaches – 40

महाराष्ट्रांतल्या पांच दर्यादेगांक आंतरराष्ट्रीय ब्लू फ्लैग प्रमाणपत्र मेळ्ळां. हे वळेरेंत रायगड जिल्ह्यांतले श्रीवर्धन, नागांव, पालघरांतले परनाका, रत्नागिरी जिल्ह्यांतले गुहागर आनी लाडघर दर्यादेग हांचो आस्पाव जाता. ही म्हायती महाराष्ट्राच्यो बायल आनी बाल विकास मंत्री अदिती तटकरे हांणी दिल्या.

IMD – 30

हवामान खात्यान आज आंध्र प्रदेशच्या दर्या देगेवेले वातार, माहे, दक्षिण अंतर्गत कर्नाटक, पुडुचेरी आणि कराईकलात मध्यम ते मुसळधार पावसाचो अदमास उक्तायला. फुडल्या दोन दिसांत ओडिशा, तेलंगना, लक्षद्वीपांत गडगड आनी जोगला मारपाची शक्यताय आसा.

Hockey – 50

काल मलेशियात सुलतान ऑफ जोहोर कप 2025 सर्तींत भारतीय कनिश्ट दादल्यांच्या हॉकी पंगडान न्यूझीलंडाचेर 4-2 अशे जैत जोडले. भारता खातीर आर्षदीप सिंग, पीबी सुनील, अरिजीत सिंग हुंडल आनी आर कुमार हांणी दरेकीं

एक एक गोल केलो. हाचे आदीं भारतान सर्तीच्या सलामीच्या खेळांत ब्रिटनाचो 3-2 असो पराभव केल्लो. भारत मंगळारा पाकिस्ताना आड खेळटलो.

----------------------------------

आकाशवाणी पणजी केंद्र कंत्राटी पद्धतीचेर खबरा वाचका खातीर अर्ज मागयता. पदवी धर कोकणी भाशेचे पुराय गिन्यान तशेच भाषांतर करपाचेर प्रभुत्व आसप गरजेचे. अर्ज पावपाची निमणी तारीख 20 oct आसा. अधिक माहिती खातीर आकाशवाणीच्या खबरा विभागा कडे संपर्क साधचो.